गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी – गोंय

पत्रक

मानवी तस्करी आडावपा खातीर संबंदीत यंत्रणांमदी समन्वय गरजेचो-श्री. गर्ग

ता. १७ सप्टेंबर २०१९

२६ भाद्रपद १९४१

मानवी तस्करी खातीर गरीबी, निरक्षरता आनी बेरोजगारी अशी कांय मुखेल कारणां जापसालदार आसात, अशें बायलां आनी भुरगीं उदरगत सचीव श्री. चोखाराम गर्ग हांणी आय़ज दोनापावला हांगांच्या इंटरनॅशनल सेंटरात आयोजीत “वेश्या वेवसायाखातीर जावपी मानवी तस्करीक आळाबंद” ह्या विशयावयल्या चर्चासत्राच्या उक्तावण कार्यक्रमात उलयताना सांगले.प्रधामंत्री कौशल्या योजना सारख्यो येवजणो ह्या समस्येचे मुळ कारण पयस करपाक शकता. जर चली वा बायल सुशिक्षीत आनी नोकरी करपी आसल्यार ती पैशाखातीर मानवी तस्करीच्या घटनांनी बळी पडपाक शकची ना, अशें सांगून श्री. गर्ग हांणी मानवी तस्करीक आळाबंद घालपा खातीर संबंदीत यंत्रणांमदी समन्वय आसपाची गरज उक्तायली. पुलीस महासंचालक श्री. प्रणव नंदा हांणी सांगले, मानवी तस्करी हो गंभीर गुन्यांव आनी मानवी हक्कांचे उल्लंघन जावन आसा. मानवी तस्करीक आळाबंद घापला खातीर सरकार वेगवेगळे उपाय करता. गोंय पुलीस खात्याचो मानवी तस्करी प्रतिबंद विभाग कार्यरत आसा, अशें सांगून ही समस्या आळाबंदाक हाडपा खातीर पुलीस यंत्रणे सयत हेर संबंदीत यंत्रणांनी एकत्रीतपणे काम करपाची गरज तांणी उक्तायली. श्री. थॉमस हांणी वेश्या वेवसाया खातीर जावपी मानवी तस्करी आडावपा खातीर करपात येवपी उपायांची म्हायती दिली. अर्ज संघटनेचे संचालक श्री. ए. पांड्ये हांणी चर्चासत्राचो उद्देश स्पश्ट करून वेश्या वेवसाया खातीर जावपी मानवी तस्करी आडावपा खातीर कायद्याची अंमलबजावणी करपी यंत्रणांमदी समन्वय आसपाची गरज उक्तायली. सुरवेक बायलां आनी भुरगीं उदरगत खात्याच्यो संचालक श्रीमती दिपाली नाईक हांणी येवकाराचे उलवप केले.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ प्रधु/ २०१९/ ५९०

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA